राज्यांत फाल्या धा तालुक्यांनी सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम

ता. 16 ऑक्टोबर 2026

राज्यांतल्या धा तालुक्यांनी फाल्या 17 ऑक्टोबराक सकाळी 10.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो. मुख्यमंत्री आनी हेर मंत्री सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रमांत लोकांची गारांणी आयकून घेतले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे सरकारी म्हाविद्यालय, विर्नोडा-पेडणे, भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हे रविंद्र भवन, फातोर्डा-मडगांव, नुस्तेमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर हे जिमखाना हॉल, नारायण झांट्ये म्हाविद्यालय, दिवचल, वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर हे कदंब बसस्टॅण्ड हॉल, वाळपय सत्तरी, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. रमेश तवडकर हे ग्रामपंचायत हॉल, नेवरा-तिसवाडी, समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हे राजीव कला मंदीर, फोंडा, पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हे रविंद्र भवन, बायणा-वास्को, येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हे नगरपालिका हॉल, सांगे, उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हे किर्लपाल-दाबाळ पंचायत सभाघर आनी भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिगंबर कामत हे रविंद्र भवन , चावडी काणकोण हांगा आयोजीत सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रमात लोकांच्यो समस्यां आनी गाराणीं आयकून घेतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/651

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.